Panaji

Regional News

28 Jan 2025….7.20pm

‘भारत रंग महोत्सव’

गोंयांत फाल्या२९ जानेवारी ते १ फेब्रुवारी ह्या काळांत नॅशनल स्कूल ऑफ ड्रामा (एनएसडी) ‘भारत रंग महोत्सव’ हो नाट्य महोत्सव आयोजीत करता. २९ जानेवारीक सांजेवेळार ६ वरांचेर पणजे कला अकादमीच्या मा दीनानाथ मंगेशकार कला मंदिरांत ह्या महोत्सवाचें उक्तावण मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जातलें. कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या महोत्सवाक चार नाटकां जातलीं. गिरीश कर्नाड हांच्या ‘नागमंडल’ ह्या नाटकान हो महोत्सव सुरू जातलो.

‘भारंगम’ ह्या नांवान वळख आशिल्लो भारत रंग महोत्सव हो संवसारांतलो सगळयांत व्हडलो नाट्यमहोत्सव. ‘एक रंग, श्रेष्ठ रंग’ (एक अभिव्यक्ती, सर्वोच्च निर्मिती) हे संकल्पने खाला भारत रंग महोत्सव आयोजीत केला. अभिनेते आनी एनएसडीचे आदले विद्यार्थी राजपाल यादव हे अंदूंचे रंग दूत (फेस्टिव्हल अॅम्बेसेडर) आसात.

२८ जानेवारी ते १६ फेब्रुवारी ह्या २० दिसांच्या काळांत भारत रंग महोत्सवांत भारता सयत णव देशांतलीं २०० परस चड नाटकां सादर करतले. भारतांत ११ सुवातांचेर आनी परदेशांत काठमांडू आनी कोलंबो ह्या दोन सुवातांचेर हो महोत्सव जातलो. महोत्सवाचो केंद्रबिंदू आशिल्ल्या दिल्ली सयत भारतांत गोंय, आगरतळा, अहमदाबाद, भटिंडा, बंगळुरू, भोपाळ, गोरखपूर, जयपूर, खैरागड आनी रांची हांगा नाटकां सादर जातलीं. ह्या महोत्सवांत आंतरराष्ट्रीय रंगमाचयेर कार्यरत आशिल्लो नाट्य पंगड वांटेकार जातलो. हातूंत रशिया, इटली,

जर्मनी, नॉर्वे, झेक रिपब्लिक, नेपाळ, तैवान, स्पेन आनी श्रीलंका ह्या देशांतल्या नाट्य पंगडांचो आसपाव आसा.

दाजी साळकार

वास्को - गोंयचे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणें गोंयकारां खातीर प्रयागराज वचपा खातीर फुकट ट्रेन सुरू करपाच्या निर्णयाचें वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें स्वागत केला.

ह्या विशयाचेर काल सांजवेळा खबराकारां कडेन उलयताना आमदार साळकार हाणें म्हळा, की अशे तरेचो म्हाकुंभ मेळावो १४४ वर्सांनी एकदाच येता. तेन्ना त्या ऐतिहासिकखिणाचे साक्षिदार जावपाचो योग गोंयकारांक मेळचो म्हुण गोंयांतल्या प्रदागराज वचपाखातीर खाशेली ट्रेन सुरू करपाची मागणी आपणें १४ जानेराक मुखमंत्र्या कडेन केल्ली. ताचेर विचार करपाचें उतर त्यावेळार

मुखेलमंत्र्यान आपणाक दिल्लें. मुखेलमंत्र्यान ही घोषणा केल्ल्यान तेखातीर आपुण डॉ. सावंत हांका देव बरें करू म्हण्टा. गोंय सरकार शिर्डी, तिरुपती, वालांकनी धाडटा तशें अजमेर सुद्धा गोंयकारांक धाडचे म्हुण फाटल्या वर्सा आपणे मुखेलमंत्र्याकडे केल्या म्हणपाची म्हायती आमदार दाजी साळकर हाणें दिल्या.

गोंय शालांत मंडळान

गोंय शालांत मंडळान १ मार्च सावन सुरू जावपी धावेच्या परिक्षेचे अंतीम वेळापत्रक जाहीर केलां. अंदू हे परिक्षे खातीर कोलवाळ केंद्राची भर पडल्या. ह्या नव्या केंद्रा सयत ३२ केंद्रांतल्यान ही परीक्षा जातली. ही परिक्षा सकाळीं साडेणव ते दनपारां साडेबारा मेरेन जातली. १ मार्च ते १५ मार्च मेरेन ही परीक्षा चलतली. हाचे उपरांत तंत्रीक विशयांची परिक्षा आसतली. विद्यार्थ्यांनी अर्द वर आदीं परिक्षा केंद्रांत पावंक जाय अशें शालांत मंडळाचे परिपत्रकांत स्पष्ट केलां. एखाद्री सुटी लेगीत जाहीर जाली तरी ही परीक्षा वेळापत्रका प्रमाणच जातली अशेंय शालांत मंडळान सांगलां. मजगती णवेची दुसरी सत्र परिक्षा २१ मार्चा सावन सुरू जातली. ह्या परिक्षेचे सविस्तर वेळापत्रक शालांत मंडळान जाहीर केला. णववेचे परिक्षा केंद्रांनी सीसीटीव्ही कॅमेरे आसप गरजेचें आसा आनी नासत जाल्यार शाळांनी ते लावपाची वेवस्था करची अशी सुचोवणी शालांत मंडळान केल्या.

आलेक्स सिक्केरा

कायदो आनी न्यायमंत्री श्री. आलेक्स सिक्केरा फाल्या बुधवार ता. 29 जानेवारी 2025 दिसा सकाळीं 10.30 ते दनपारां 12.00 वरां मेरेन वेर्णा पंचायत सभाघरांत लोकांची गाराणीं आयकुन घेतले.

## कोंकणींत समर्थ नेतृत्वाचो उणाव : मावजो

इतिहासीक आनी भुगोलीक नदरेन कोंकणीचो छळूच जाला. तरी कोंकणीक दोन ज्ञानपीठ पुरस्कारां सयत सरस्वती सन्मान पुरस्कारूय फावो जाला. कोंकणीन बरीच उदरगत केल्या. तरी कोंकणी कडेन समर्थ नेतृत्वाचो उणाव आसा. कोंकणी साहित्य आनी भाशेंत आशिल्लो उणाव भरून काडपाचें आव्हान कोंकणीभाशकां सामकार आसा अशें ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतिवंत साहित्यकार दामोदर मावजो हांणी सांगलें. गोंय विद्यापीठाच्या कविवर्य बा. भ. बोरकार अध्यासना खाला 'कोंकणी साहित्यांत काल्पनीक कथेचें स्थान' ह्या विशयाचेर तांचें मिरामारच्या धेंपे महाविद्यालयांत व्याख्यान जालें. ताका प्राध्यापक डॉ. प्रकाश पर्येंकार, महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. पी. एस. राममुर्ती, प्रा. अंजू साखरदांडे आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

मराठी, बंगाली, कन्नड भाशकांचे तुळेंत कोंकणीभाशक लोक उणे आसात. तरी कोंकणीन बरीच उदरगत केल्या. दुर्दैवान कोंकणीक राजाश्रय लाभूंक ना आनी लोकाश्रयूय मेळूंक ना. पुर्तुगेजां पयलीं गोंयचेर शिलाहार, कदंब, यादव, विजयनगर राजा, अदिलशहा हांच्यो राजवटी आशिल्ल्यो. ताका लागून कोंकणीची उदरगत जावंक पावली ना. विवीध राजवटींनी जाल्ल्या छळांक लागून जायते गोंयकार हेर राज्यांनी गेले. पुर्तुगेज राजवटींतल्यान गोंय १९६१ वर्सा मुक्त जालें. उपरांत

कोंकणीची उदरगत जायत गेली. १९७५ वर्सा साहित्य अकादेमीन कोंकणीक साहित्यीक भास म्हणून मान्यताय दिली. कोंकणीचो संविधानाच्या आठव्या परिशिश्टांत आसपाव जालो. १९८७ वर्सा कोंकणीक राजभाशेचो दर्जो मेळ्ळो. मात हे खातीर खर आंदोलन करचें पडलें. हेर भाशांचे तुळेंत उणें जरी आसलें तरी कोंकणींत दर्जेदार साहित्य तयार जाता. कोंकणी साहित्यांत सगळे प्रकार जरी आसले तरी इतिहासीक कादंबरी निर्माण जावंक ना, अशे ताणी सांगले.

## ओपा खांडेपार

ओपा खांडेपार गांवांतल्या लोकांक तांच्या पारंपरीक मसंडभूंयेत प्रेतदहन करपाक राना खात्याचे अधिकारी आडायतात म्हूण जयवंत आवडो गावडे आनी हेर थळाव्या ग्रामस्थांनी गोंय अनुसुचीत जाती आनी

अनुसुचीत जमाती आयोगा कडेन केल्ल्या कागाळी संदर्भात चवकशी करपा खातीर आयोगाचे अध्यक्ष श्री. दीपक करमळकर हांणी हांलीच ओपा खांडेपार गांवांत भेट दिली आनी परिस्थिती जाणून घेतली. थळावें नागरिक फाटल्या अनेक वर्सां सावन सदर सुवातेचो वापर प्रेतदहन करपा खातीर करतात.श्री. करमळकर हांणी जो मेरेन कागाळीचेर निर्णय

जायना तो मेरेन ग्रामस्थांक प्रेतदहन करपाक आडावचे न्हय, असो आदेश राना खात्याच्या अधिकाऱ्यांक दिलो. राना खाते, पंचायत

आनी थळाव्या नागरिकांच्या सहमतीन हो प्रस्न सुटावो करपात येतलो, अशें तांणी सांगलें.उपरानपाल श्री. जे. वार्के, रेंज फॉरेस्ट ऑफिसर दीपक तांडेल, एड. उपासो गांवकार, सुदेश गावडे, कुर्टी खांडेपार पंचायतीचे सरपंच अभिजीत गावडे, जयवंत गावडे आनी हेर ग्रामस्थ ह्या वेळार हजर आशिल्लें.

## आय एस एल फुटबॉल

गोयचो खेळगडो लिस्टन कुलासो होणे ७४ व्या मिनिटाक केल्लोगोल मोहन बागान पंगडाक मोलाचो थारलो. यजमान पंगडानबंगळुरू एफ सी क १ आड शुन्य हारावन इंडियन सुपर लीगम्हळयार आय एस एल फुटबॉल सर्तींतली सुवात मजबूत केलीमोहन बागानान १२ व्या जैताची नोंद केली. तांचे १८खेळातल्यान सर्वाधिक ४० गुण जाल्यात आणि दुसऱ्यासुवातीचेर एफ सी गोआचे ३३ गूण आसात

## वीज पुरवण खंडीत

ता. 29 जानेवारी 2025 दिसा 11 केव्ही पोरणे गोंय  फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळीं 9.30 ते दनपारां 2.00 वरां मेरेन मे-फ्लाव्हर बिल्डिंग, नावेलकर हिल सीटी, नावेलकर गुदांव, पोदार स्कुल आनी सरभोवतणच्या  वांठारांत वीज पुरवण जावची ना.ता. 29 जानेवारी 2025 दिसा 11 केव्ही बागा  फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळीं 9.30 ते दनपारां 2.00 वरां मेरेन सावतावाडो, बागा बीच, रिव्हर सायड, बागा आर्पोरा, रिट्रीट हाऊस आनी सरभोवतणच्या  वांठारांत वीज पुरवण जावची ना.